# संवसारीक भलायकी दीस मनयलो

**ता. 7 एप्रिल 2022**

भलायकी सेवा संचालनालयाच्या भलायकी शिक्षण मंडळान आयज पणजे मिनेझीस ब्रागांझा सभाघरांत आयोजीत कार्यक्रमात संवसारीक भलायकी दीस मनयलो. "आपलो ग्रह, आपली भलायकी" अशी ह्या वर्साच्या संवसारीक भलायकी दिसाची संकल्पना आसा.

गोंय राज्य जैवविविधताय मंडळाचे वांगडी सचीव आनी गोंय राज्य वेटलँड प्राधिकरणाचे नोडल अधिकारी डॉ प्रदिप सरमोकादम हे ह्या कार्यक्रमाचे मुखेल उलोवपी आशिल्लें.

डॉ. प्रदिप सरमोकादम हांणी आपल्या उलोवपात संवसारीक भलायकी दिसाची परबीं भेटयताना सांगलें, की कोवीड म्हामारीच्या कठीण परिस्थितीपासून आमी धडो घेवपाक जाय आनी ह्या दुयेंसाचे मूळ सोदपाक जाय. जर निसर्ग निरोगी आसत जाल्या आमीय निरोगी रावतले, हे आमी लक्षांत दवरपाक जाय. आपली भलायकी आनी निसर्ग हांचो मदलो दुवो म्हळ्यार अन्न, उदक, हवा आनी माती. आमचे पारंपरीक गिन्नान हे व्ह भंडार आसा आनी ते आमी समजून घेवपाची गरज आसा. अशें तांणी सांगलें.

डॉ सरमोकादम हांणी सांगलें, दोतोर हे समाजाचेर अदीक प्रभाव घालतात. ते समाजाक शिक्षीत करतात. संवसारांतले ८० टक्के लोक आजून पारंपरीक वखदांचेर निंबून आसात आनी देखून पर्यावरण आनी सैम म्हत्वाचो आसा. सध्या जी वखदां निसर्गातल्यान येतात ती लेगीत सगळीं कृत्रिम नासतात. वखदी वनस्पत ही पारंपरीक वखदांचो कणो आसा. जर मनशाक योग्य अन्न मेळत जाल्यार ताकां वखदांची गरज लागची ना, अशें तांणी सांगलें. तुमी तुमच्या सैमीक संसाधनांचे आनी पारंपरीक ज्ञानाचे मालक आसात. जर आमी सैमाची राखण केली जाल्यार आमची भलायकी नक्कीच बरी उरतली. सैमान जे आसा ते आमच्या ताटात येतले. समृद्ध जैवविविधताय - अदीक समृद्ध आमची प्लेट आसतली. अशां तरेन ग्रह आनी अन्नाचे ताट हांचो संबंध आसा आनी म्हूण जर आमची अन्नाची थाली निरोगी आसत तर आमी निरोगी उरतले. पर्यावरणाचो सांबाळ करप म्हळ्यार आमी सुरक्षीत रावप, अशेंय तांणी म्हणलें.

आमच्या देशांत ९ पाणथळ जागे आसात तातूंत गोंयान सात पाणथळ जागे सोदल्यात. पाणथळ जमनीचे संरक्षण करून जीवसंपत्तीचो सांबाळ करपाची गरज आसा. हवामान बदल ही आयज जागतिक समस्या जाल्ली आसा आनी त्या खातीर आमी सगळ्यांनी एकवटान पर्यावरणाचो सांबाळ करपा खातीर करपाक जाय, असो उलो डॉ. सरमोकादम हांणी मारलो.

राज्य कुटुंब कल्याण मंडळाचे मुख्य वैजकी अधिकारी आनी लसीकरण अधिकारी डॉ राजेंद्र बोरकर हांणी गोंयान सगळें भलायकी कर्मचारी आनी हेरांच्या प्रयत्नांतल्यान साथीच्या रोगाचेर नियंत्रण मेळोवपाक यश मेळयला, अशें सांगलें.

राज्य एपिडेमियोलॉजिस्ट डॉ उत्कर्ष बेतोडकर हांणी भलायकी विभागान सूरू केल्ल्या हरित उपक्रमांची म्हायती दिली.

ह्या वेळार राज्यभरातल्या सगळ्या सामुदायीक भलायकी केंद्रांचो आनी मुळाव्या भलायकी केंद्रांचो भोवमान केलो.

दंत विभागाचे उपसंचालक डॉ. उज्वल प्रभुदेसाय, उत्तर जिल्हा हॉस्पिटलाचे वैजकीय अधीक्षक डॉ. वंदना धुमे, आयुषचे उपसंचालक डॉ. मीनल जोशी, डॉ. गीता काकोडकर हेर कार्यक्रमाक उपस्थित आशिल्लें.

डॉ आयरा आल्मेदा हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो जाल्यार डॉ सिओना गोम्स हांणी उपकार मानले. ॲड पल्लवी मुळगांवकर हांणी कार्यक्रमाचे सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/235

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji